180 मन की बात

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यावळींत राष्ट्राक संबोधीत करतना कारगिल विजय दिसाच्या निमतान राष्ट्राच्या धाडसी जवनाचो उगडास केलो . शहीदांक श्रद्धांजली दिवचो आनी सुरक्षीत, सक्षम, आनी आत्मनिर्भर भारत उबारपाचो संकल्प आनीक घटमूट करचो अशें श्री मोदी हांणी सांगलें. डी आर डी ओन ह्याच म्हयन्यांत लांब अंतराचेर मारो करपी रॉकेटाचीय येसस्वी चांचणी विशी तानी खोशी उकतायली.ह्या म्हयन्याचे सुरवेक इंडोनेशियाक भेट दितना ब्रह्मोस आनी अॅस्ट्रा क्षेपणास्त्रां संबंदी व्हडली कबलात जाल्ली अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. भारताच्या संरक्षण उपकरणां आनी तंत्रगिन्यानाचेर वाडत आशिल्लो संवसारीक विस्वास पळोवन तांणी समाधान उक्तायलें.

कांय दिसां आदीं ग्लासगोंत सुरू जाल्ल्या राष्ट्रकुल खेळांत वांटो घेवपी सगल्या खेळगड्यांक दरेक भारतीय उर्बा दिता अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.

राष्ट्रांत 7 ऑगस्टाक ‘राष्ट्रीय हातमाग दीस’ मनयतले. देशांत विणकारांची कुशळटाय आनी सृजनशीलताय ह्या दिसा मनयतात अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. हातमागाच्या कारागिरींक उर्बा दिवन विणकारांक मान दिवचो आनी ‘व्होकल फॉर लोकल’ जावपाची भावना आनीक घटमूट करची अशें तांणी सांगलें.

गणेश उत्सवा वेळार सगळ्यांनी देशांतल्या मातयेंतल्यान तयार केल्ल्या गणेश मूर्तींची पुजा करची असो उलो श्री मोदी हाणी माल्ला.देशभरांतले लोक ‘एक पेड माँ के नाम’ मोहिमे वरवीं सैमा कडेन आपली जापसालदारकी पुराय करतात हाचेर प्रधानमंत्र्यानी समाधान उक्तायलें.

नगरपालिका प्रभाग 90

राज्य वेंचणूक आयोगान इकरा नगरपालिकांच्या प्रभाग फेररचणुकेचो प्रस्तावित मसूदो जाहीर केला. प्रभाग फेरचणुकेविशी नागरिकांक हरकती वा सुचोवण्यो सादर करपाक 30 दिसांची मुजत दिल्या. ह्या मुजतीत नागरिकांक फेरचणुकेविशीच्यो हरकती लेखी स्वरूपात सादर करच्यो पडटल्यो. हरकतींचो विचार करून प्रभाग फेररचणुकेची निमणी अधिसूचोवणी राज्य वेंचणूक आयोग जारी करतलो.मुरगाव, मडगाव, काणकोण, सांगे,

कुंकळ्ळी, केपे, कुडचडे - काकोडा, पेडणे, म्हापसा, दिवचल आनी वाळपय ह्या इकरा नगरपालिका मंडळांचो कार्यकाळ सोपिल्ल्यान प्रसासकाची नेमणूक जाल्या. ह्या इकरा नगरपालिकांच्या वेंचणुकेची प्रक्रीया राज्य वेंचणूक आयोगान सुरू केल्या. प्रभाग फेररचणुके उपरान आरक्षणाची अधिसूचना जारी जातली. ऑक्टोबरान इकरा नगरपालिकांची वेंचणुक जावपाची शक्यता आसा.

210 कारगील विजय

भारतीय सशस्त्र दलाचें शौर्य, शिस्त आनी निःस्वार्थ सेवाभाव हांचो आदर्श तरणाट्यांनी आपल्या जिणेंत अंगीकारपाक जाय, तशेंच कारगील युद्धांत शहीद जाल्ल्या जवानांच्या सर्वोच्च बलिदानांतल्यान दर एका भारतीयाक देशभक्ती, राष्ट्रीय एकात्मता आनी राष्ट्रसेवेची प्रेरणा घेवपाक जाय, अशें नागरी पुरवण खात्याचे सचिव संजीव गडकर हांणी म्हणला. एक्स-एनसीसी कॅडेट्स असोशिएशन-गोंय, १ गोंय बटालियन एनसीसी आनी गोवा ह्युमन रिसोर्स डेव्हलपमेंट कॉर्पोरेशन हांचे वतीन , पणजेच्या आझाद मैदानांतल्या हुतात्मा स्मारका मुखार कारगील विजय दिसाच्या २७व्या वर्धापन दिसा कार्यावळ जाली. कार्यावळीत ते उलयताले. एक्स-एनसीसी कॅडेट्स असोशिएशन-गोंयाचे अध्यक्ष सुनील शेट हांणी मखेल सोयरे, सेलिब्रिटी सोयरे आनी हाजीर आशिल्ल्या आदल्या लष्करी अधिकाऱ्यांक येवकार दीलो.ताच्या उपरांत हुतात्मा स्मारकाचेर भावपूर्ण वातावरणांत पुष्पचक्र अर्पण करपाचो कार्यक्रम जालो. सगळ्यांत पयलीं सुनील शेट, कर्नल बाळकृष्ण शिरोडकर (नि.), कॅप्टन उत्पल दत्ता, एनएम (नि.), सुश्री हेमा सरदेसाय आनी संजीव गाडकर हांणी पुष्पचक्र अर्पण करून कारगील वीरांक आर्गा ओंपली.

100 सिद्धार्थ कुंकळ्येकर

भाजपाचे ज्येष्ठ फुढारी आणि सरचिटणीस सिद्धार्थ कुंकळ्येकर हाणी नीट पेपरफुटी प्रकरणी सुरू आशील्ल्या विद्यार्थी आंदोलनाचो वापर देशविरोधी अजेंडा पुढे नेव्हपाक आणि उमर खालिद सारख्या व्यक्तींच्या सुटकेची मागणी करपाच्या यत्नाचो खर उतरानी निषेध केला.पत्रकारांकडेन उलयताना कुंकळ्येकर हाणी , नीट पेपरफुटी ही देशभरातल्या २२ लाखां परस अधिक विद्यार्थ्यांच्या भविष्याकडेन संबंधित एक अत्यंत गंभीर गजल आसा अश्ये म्हटला.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हॉनच्या फुडारपणा खालच्या केंद्र सरकारन कठोर कारवाई करत आरोपींक अटक केली, जलदगती न्यायालयाची स्थापणुक केली आणि जबाबदारी स्वीकारून केंद्रीय शिक्षणमंत्री धर्मेंद्र

प्रधान हाचो राजीनामो घेतला. तरीय देशविरोधी शक्तींकडल्यान विद्यार्थ्यांच्या व्यासपीठांचो वापर करून तानचे दुष्ट हेतू साध्य करपाचो यत्न जाता म्हुण कुंकळ्येकर हाणी खर हुस्को उक्तायला.

100 तांत्रिक पारिभाषिक उतर साठो

केंद्रीय शिक्षण मंत्रालया खाला येवपी दिल्लीच्या वैज्ञानिक आनी तांत्रिक पारिभाषिक आयोगान गोवा कोंकणी अकादमीच्या जोड पालवान वेगवेगळ्या विशयांचेर वैज्ञानिक आणी तांत्रिक पारिभाषिक उतर साठो तयार करपाचो प्रकल्प हातात घेतला. हाचोच वांटो म्हूण प्राणिशास्त्र विशयाची पारिभाषिक उतरावळ समीक्षे उपरांत तयार जातली.प्रकल्पाच्या पयल्या पांवड्यार कोंकणी अकादमीत प्राणिशास्त्र उतर साठ्याचेर एका कार्यशाळेची सुरवात जाल्या. प्राणिशास्त्राशी संबंदीत सुमार २०,००० उतरां तयार करपाचें या प्रकल्पाची मोख आसा.या कामाखातीर डॉ. किरण बुडकुले, डॉ. आय. के. पै , डॉ. गुरुनाथ खानोलकार, डॉ. पुर्णानंद च्यारी, सुशांत नायक, डॉ. आदिती बुडकुले आणी डॉ. अशोक एन. सेल्वाटकर या सारख्या नामनेच्या प्राणिशास्त्रज्ञ आणी भास तज्ज्ञांचे योगदान आसतले.

150 वन महोत्सव फोंडा

फार्मागुडी फोंडा हंगाच्या फार्मसी कॉलेजीच्या वाठारांत लायन्स क्लब ऑफ फोंडा, पीईएस राजाराम तरबाई कॉलेज ऑफ फार्मसी आनी गोंय सरकारच्या रान खात्याच्या सहकार्यान वन महोत्सव घडोवन हाडलो. ह्या वेळार लायन्स फोंडा क्लबाचे वांगडी, रान खात्याचे अधिकारी आनी पीएस फार्मासी कॉलेजीचे कर्मचारी व्हड प्रमाणांत हाजीर आशिल्ले. पीएस शिक्षण संस्थेचे अध्यक्ष तसेच राजीव गांधी कला मंदिर चे अध्यक्ष रितेश नायक, फोंडा लायन्स क्लबाचे अध्यक्ष दुर्गाप्रसाद पै , रान खात्याचे उपवनपाल जीस वर्की, सहाय्यक उपवनपाल श्री . चोडणकर ,परिक्षेत्र वन अधिकारी दिपक तांडेल, लायन्स क्लबचे पयले प्रांतपाल सुदेश बोरकर आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. उपस्थित वांगड्यांनी झाडां लावन वन महोत्सव मनयलो. ह्या वेळार म्हाविद्यालयाच्या वाठारांत सुमार 20 फळां आनी वखदी झाडां रोयलीं तसेच उपस्थित विद्यार्थी आणि कर्मचाऱ्याक मनेस्ताच्या हस्तूकी झाडा रोपा भेटायली.

110 टोनी बेनबो

लायन्स क्लब उपआंतरराष्ट्रीय अध्यक्ष टोनी बेनबो आनी तांची घरकांन सू बेनबो भारताच्या भोंवडेर आशिल्ली. गोंयच्या तांच्या भेटी वेळार फोंडा लायन वांगड्यां खातीर

सद्भावना भेट कार्यावळ आयोजीत केल्ली. ही कार्यावळ  सहकारी स्पाइस प्लांटेशन फॉर्म फोंडा हांगा जाली. मजगतीं, फोंडाच्या पदाधिकारी लायन वांगड्यांक मेळून ताका लायन्साच्या जगभराच्या वावराची म्हायती हांगा दिली. लायन्साचे उप जिल्लो राज्यपाल सुदेश बोरकर, गविसिद्दप्पा मुदगल माजी , भारताचो आदलो आंतरराष्ट्रीय वांगडी वामशीदार बाबू, माजी प्रांतपाल प्रदीप कुलकर्णी, अर्ल ब्रिटो आणि हेर मानेस्त ह्या वेळार हाजिर आशिले. ह्या वेळार  वांगड्यांनी  टोनी बेनबो हांचो भोवमान केलो. फोंडा लायन्स प्रशासक आणि उपप्रांतपाल सुदेश बोरकर, अध्यक्ष दुर्गाप्रसाद पै, खजिनदार चंदन कुमार नाईक, प्रांत सदस्य विशाल देसाई  आनी हेर वांगडयांनी टोनी बेनबो  हांका फोंडा लायनाच्या वावराची म्हायती दिली.

<u>खेळ 80</u>

गोवा फुटबॉल असोसिएशनान नियोजित गोवा राज्य फुटबॉल खळगडे संघटना निर्मितीची प्रक्रिया सुरू केल्या. राश्ट्रीय क्रीडा प्रशासन कायद्या प्रमाण अखिल भारतीय फुटबॉल महासंघान तांच्या घटनेंतल्या कलमा प्रमाण सगळ्या संलग्न संघटनांक राज्य फुटबॉल खेळगडे संघटना स्थापन करपाचे निर्देश दिल्यात. ह्या निर्देशांक पाळो दिवन जी-एफ-एच्या कार्यकारी समितीन गोवा राज्य फुटबॉल खेळगडे संघटना स्थापन करपाच्या प्रक्रियेक सुरवात करपाचो आनी फुटबॉल खेळगड्यांक ही संघटना स्थापन करून जी-एफ-ए वरवीं मान्यता प्राप्त कायदेशीर संस्था म्हणून तिची नोंदणी करपाक मजत जावची म्हूण हो निर्णय घेतला.

<u>हवामान 90</u>

गोय  हवामान केंद्रान, २६ ते २९ जुलै हे सलग चार दिसांखातीर  उत्तर आणि दक्षिण जिल्ह्यांक  यलो अलर्ट जारी केला.हवामान विभागाच्या अंदाजाप्रमाण , २६ जुलै दिसा काय जाग्यान्चेर  तर २७ ते २९ जुलैदरम्यान काय वाठारानी  उटन्गाराचो  पावस पद्पाचो  अदमास  आसून, वराक  ४० ते ५० किलोमीटर वेगान सुसाट्याचो  वारो व्हाव्तालो अशी शिटकावणी  दिल्या..तसेच २६ जुलै ते १ ऑगस्ट या पुराय कालावधीत उत्तर आणि दक्षिण गोव्यात चडश्या  जाग्यान्च्येर  मध्यम स्वरूपाचो पावस लागतलो ..